आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

प्रादेशिक खबरा विभागावरवी

Date: 03/10/2025 6.30 PM

120

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां नवी दिल्लीत 62 हजार कोटी परस चड मोलाच्या वेगवेगळ्या युवाकेंद्रीत उपक्रमांचें अनावरण करतले. तरणाट्यांची कुशळटाय उदरगती खातीर इतिहासीक उपक्रमाच्या आदारान देशभरांतल्या एक हजार सरकारी आयटीआय संस्थांचो दर्जो वाडोवपा खातीर प्रधानमंत्री पीएम-सेतू चो शुबारंभ करतले.

तशेंच बिहारांखातीर पुनर्रचणूक केल्ली मुख्यमंत्री निश्चय स्वयं सहायता येवजण चालिक लायतले. उद्देग प्रधान अभ्यासक्रम आनी वेवसायीक शिक्षणाक चालना दिवपा खातीर ते बिहारांत जन नायक कर्पूरी ठाकुर कौशल्य विद्यापिठाचें उक्तावण करतले. तशेंच बिहारांतल्या चार विद्यापिठांनी नव्या शिक्षणीक आनी संशोधन सुविधांचो बुन्यादी फातर घालतले आनी बिहटात एनआयटी पाटणाच्या नव्या कॅम्पसाचें उक्तावण करतले. तशेच ते 34 राज्यां आनी केंद्र शासित प्रदेशांतल्या नवोदय विद्यालयांत आनी एकलव्य मॉडेल रेसिडेन्सी विद्यालयांत स्थापन केल्ल्या हजार दोनशें वेवसायीक कुशळटाय लॅबांचें उक्तावण करतले. उपरांत प्रधानमंत्री कौशल दीक्षांत सुवाळ्यांत आयटीआय टॉपरांचो भोवमान करतले

45

केंद्रीय घरमंत्री अमित शाह हाणी आयज हरियाणाच्या रोहतक शारांत साबर दुद प्रकल्पाचें उक्तावण केलें. फाटल्या 11 वर्सांत देशांतल्या दुड मळार 70 टक्क्यांनी वाड जाल्या अशें तानी सांगलें. हो प्रकल्प देशांतलो सगळ्यांत व्हडलो प्रकल्प आसा आनी ताका लागून दुद उत्पादक शेतकारांक चड लाव जातलो असो विस्वास तांणी उक्तायलो.

30

अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण हांणी विकसीत भारताचें ध्येय साध्य करपा खातीर आठ टक्क जीडीपी वाडीची आवश्यकताय अधोरेखित केली . नवी दिल्लींत जाल्ल्या कौटिल्य अर्थीक शिखर सभेच्या उक्तावण सुवाळ्यात तानी सांगले

80

केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री  डॉ. मनसुख मांडविया हाणी  आज क्वालालंपूरात आंतरराष्ट्रीय सामाजिक सुरक्षा संघटनेचे (ISSA) अध्यक्ष आनी मलेशिया आणि युगांडाच्या शिष्टमंडळां वांगडा द्विपक्षीय बसका घेतली . हे बसकेंत कुशळटाय मान्यताय, सुरक्षीत कामगार गतिशीलताय  आनी समाजीक संरक्षण सहकार्याचेर चर्चा केल्या अशें मंत्रालयान सांगलें.

मजगती भारताक समाजीक सुरक्षाततायेतल्या उत्कृश्ट कामगिरी खातीर ह्या वर्साचो आंतरराष्ट्रीय समाजीक सुरक्षा संघटनेचो पुरस्कार फावो जाला. मलेशियात आयोजित आयएसएसए आयोजित कार्यक्रमात केंद्रीय कामगार आनी रोजगार मंत्री  डॉ. मनसुख मांडविया हो पुरस्कार स्वीकारतले

60

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव आनी जपानचे पर्यटन मंत्री  हिरोमासा नाकानो हांणी आयज सूरत हाय-स्पीड रेल्वे (एचएसआर) बांदकाम सुवातेक भेट दिली. ह्या भेटी वेळार दोनूय मंत्र्यांनी मुंबय-अहमदाबाद हाय-स्पीड रेल प्रकल्पाचो नियाळ घेतलो. दोनूय फुडाऱ्यांनी सुवातेर दवरिल्ल्या उंचेल्या दर्ज्याच्या मानकांची आनी बांदकामाच्या गतीची तोखणाय केली. भारताचो पयलो बुलेट ट्रेन कॉरिडोर साकारपा खातीर भारत आनी जपान मदीं वाडत्या भागीदारीचेर हे बसकेत भर दिला.

100

वेगान आनी नेटान आपलो हेत साध्य करून पाकिस्तानाक प्रतुउतर दिवपी संघर्श म्हणून ऑपरेशन सिंदूराची याद उरतली अशें हवाई मुखेल मार्शल अमरप्रीत सिंग हाणी म्हणला. भारतान पाकिस्तानांतल्या जायत्या लक्ष्यांचेर हल्लो केलो आनी हे कारवायेंत चार ते पांच पाकिस्तानी झुजारी विमानां नश्ट केलीं. भारतीय सशस्त्र दळाक स्पश्ट सुचोवण्यो आनी आदेश दिल्ले अशें तांणी सांगलें. नियोजनाच्या पांवड्या सावन तिनूय सैन्य दळान एकठांय काम केले अशें तांणी मुखार सांगलें. भारतीय वायुसेना अंदूं 8 ऑक्टोबराक आपली 93वी वर्धापन दीस मनयतली. हे संबंदीत आयज नवी दिल्लींत घेतील्ले पत्रकार परिशदेंत सांगले की

55

भू प्रशासन आनी आपत्ती व्यवस्थापन या विशयाचेर दोन दिसांची राष्ट्रीय परिशदेक आयज गांधीनगरांत सुरूवात जाली. गुजराताचे मुख्यमंत्री भूपेंद्र पटेल हांणी उक्तावण सुवाळ्यात  नागरिक-केंद्रित दृष्टिकोणक उर्बा दिवपाखातीर आनी जमिनीचे हक्क सुनिश्चित करपाखातीर जमनीच्या नोंदीचें डिजिटलीकरण आनी देशी तंत्रगिन्यानाचो वापर करपाचें म्हत्व अधोरेखित केले. तशेंच आयज परिशदेंत नव्या महसूल कार्यालयां, महसूल डायरी आनी एकत्रीत भूं प्रशासन वेवस्थेचें उक्तावण ताणी केंलें.

हवामान 40

भारतीय हवामान खात्यान आयज बिहारांत आनी छत्तीसगडात उतांगराच्या पावसाखातीर  रेड अलर्ट जारी केला . मजगती गोयात हल्को ते मध्यम पावस पड्पाची शक्यताय पणजी वेधशाळेन उक्तायला.

स्पोट्र्स 30

भारत-वेस्ट इंडीज कस लावपी क्रिकेट खेळामाळेतल्या पयल्या खेळाच्या दुसऱ्या दिसा भारतान--- धांवड्यांनी आघाडी घेतल्या.

नॉर्वेच्या फोर्डे शारांत जाल्ले संवसारीक वेटलिफ्टिंग  सर्तींत भारताचे  मिराबाई चानू हिणें बायलांच्या 48 किलो विभागांत रुप्या पदक जिखलें

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर